भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# गिडियनाची ल्हान सैना



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.


जोशूवा मेल्या उपरांत सगळया इज्रायल लोकांनी देवाची आदन्या मोडली आनी ताका आपल्या जिवितांतल्यान भायर सोडलो. देवान शेजारच्या
मिद्यानी लोकांक इज्रायलाचीं पिकां आनी घरां जळोवंक दिलीं. इज्रायल लोकांक घुफात रावचें पडलें.



गिदोन, ह्या एका इज्रायल
मनशाक, गंव पिकोवंक गुपीत
सुवात आशिल्ली आसूंक जाय.
ताणें तें धान्य लिपल्लें,
सोऱ्याच्या
दाबांतल्यान,

व्हडल्या
झाडा सकयल
कुरकुरीत केलें.


मिद्यानी लोकांक ती सुवात खबर नाशिल्ली – पूण देवाक खबर आशिल्ली! देवान गिदोनाक संदेश दिवपाक एक देवदूत धाडलो.

गिदोनान आपल्याच बापायची खोट्या देवाची मूर्त नश्ट करून खऱ्या देवाक वेदी बांदची अशें देवाक जाय आशिल्लें. गिदोनाक आपल्या देशांतले लोक ताका मारतले असो भंय आसलो तरी ताणें देवान सांगिल्लें तें केलें.



गिदोनान इज्रायलाच्या सैन्याक वायट मिद्यानी लोकां आड फुडाकार दिवचो अशें देवाक जाय आशिल्लें. पूण गिदोन भियेलो. देव आपल्या वांगडा आसा हाची खाशेली खूणा मागली. उपरांत ताणें जमनीर एक ऊनाची मेंढराची कात घाली.





"फकत ऊनाचेर
दंव आसल्यार
आनी सगळ्या
जमनीचेर
सुकल्यार"
गिदोनान मागणें केलें, "तेन्ना तुवें
सांगिल्ल्या प्रमाणें तूं म्हज्या हातान
इझ्राएलाक वाचयतलो हें म्हाका कळटलें." सकाळीं
जमनी सुकी आशिल्ली, पूण ऊन ओली भिजताली!

गिदोनाक अजूनय दुबाव आसलो.
आतां ताका देवान जमनीचेर दंव
धाडचो पूण ऊनाचेर न्हय अशें मागले.
दुसऱ्या दिसा सकाळीं – जमीन ओली
आशिल्ली, पूण ऊन सुकी!



गिदोनान ३२,००० सैन्यान सुरवात केली. देवान तें फकत ३०० मनशां मेरेन कापलें. देवाक नाका आशिल्ली इज्रायलान “म्हज्याच हातान म्हाका वाचयला” म्हणचें. एकलोच देव इज्रायलाचो सोडवणदार आशिल्लो.



गिदोन अजून भियेता हें जाणून, देवान ताका गुप्तपणान एका मिद्यानी सैनिकान दुसऱ्याक एक विचित्र सपन सांगिल्लें आयकूंक दिलें. सपनांत, एक भाकरी मिद्यानी तंबूचेर पडून तो तंबू नश्ट केलो.



दुसरो रक्षक भियेलो. “ही ... गिदोनाची तलवार ...”, तो रडलो. गिदोनाक तें सपन आनी ताचो अर्थ आयकून कळ्ळें की देव ताका जैत दितलो.





गिदोनान रातचो हल्लो
करपाची येवजण आंखली.
ताणें दर एका सैनिकाक
एक तुरही, आनी भितर
मशाल आशिल्ले रिते घडे
दिले. तांणी मिद्यानी
सैन्याक वेढो घालो.

गिदोनाच्या संकेता प्रमाण सैनिकांनी आपले तुरही वाजयले, आपले घडे फोडले आनी मशाल पेटयले. कसलो आवाज! कसलो गोंदळ! भियेल्ले मिद्यानी उठले आनी पळून गेले.



ह्या व्हड जैता उपरांत इज्रायलाच्या मनशांनी गिदोनाक तांचेर राज्य करपाक सांगलें. “हांव तुमचेर राज्य करचो ना ... सर्वेस्पर तुमचेर राज्य करतलो” गिदोनान जाप दिली. लोकांच्या जिवितांत राज्य करपाचो अधिकार फकत देवाक आसा हें ताका खबर आशिल्लें.



# गिडियनाची ल्हान सैना

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

न्यायाधीश ६-८

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16